**नाविकांक कळोवणी**

ता. 12 फेब्रुवारी 2025

एंड्युरो स्पोर्टस आस्थापनान मिरामार बीच ते करंझाळें दर्या वाठारांत 21 फेब्रुवारी 2025 दिसा सकाळी 7.00 ते दनपारां 2.00 वरा मेरेन, 22 फेब्रुवारी 2025 दिसा सकाळी 7.00 ते दनपारां 12.00 वरा मेरेन आनी 23 फेब्रुवारी 2025 दिसा सकाळी 7.00 ते 10.00 वरा मेरेन अक्वामोगा 2025 ह्या उदका खेळ एंड्युरन्स सर्तीचें आयोजन केला.

ते खातीर मांडवी न्हंयेतल्यान येरादारी करपी सगळ्यों बार्जी, प्रवासी लाँची, क्रुईज बोटी, उदकाखेळ बोटी, पनेळ, फेरीबोटीं, नुस्तेमारी बोटीं, आनी हेर यांत्रिकीं आनी बिनयांत्रिकीं नाविकांनी सर्तीक कसलीच आडखळ येवची न्हय म्हुण वयल्या काळांत बारीक नदर दवरून, सवकसायेन येरादारी करची आनी गरज पडली जाल्यार सुरक्षीत अंतराचेर थांबचे. तशेंच गस्तीचेर आशिल्ल्या बोटीवयल्यान तांबडो बावटो दाखोवन दिवपात येवपी सुचोवण्यांक पाळो दिवचो, अशें कॅप्टन ऑफ पोर्टस् खात्यान कळीत केला.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/138

--
------------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.